प्रादेशिक खबरो

28.03.2025 @ 7.20 pm

HL

- गोय सरकार  हाचे मुखार कृषी कार्डाच्या मार्फत दर एका शेतकऱ्याक पाच लाख रुपया पर्यंत रीण दितले  चढानचढ तरणाट्यांनी शेती व्यवसायात देवचे अशें आवाहन मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं केले.
- गोंय हस्तकला म्हामंडळान 31 मार्चाक अपरांन्त मांण्ड 2025 ह्या प्रदर्शनाचे आयोजन केला
- गोंयच्या गांवगिऱ्या वाठारात खरो आनी चड कलागुण  आनी कार्यक्षम आशील्लो तरणाटो आसा अशे सभापती रमेश तवडकार हांणी म्हणला.
- २०२६ वर्सा सावन धावी वर्गाच्या परिक्षांनी विषयाच्या मुळाव्या संकल्पनाचेर आधारीत प्रस्न आसतले अशें गोंय माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेट्ये हांणी सांगलें.

--------------

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांचे आत्मनिर्भर भारत स्वयंपूर्ण गोंय हे स्वप्न साकार करतलें जाल्यार एग्रीकल्चर, हॉर्टिकल्चर, फिशिंग,  डेयरी तशेच फ्लावरी हे पाच घटक खूप महत्त्वपूर्ण आसा आनि या पाच घटकांचो वापर करून नवीन पद्धत तशेच विज्ञानिक दृष्टिकोनातल्यान जर शेती केली जाल्यार शेतकामती स्वतःची तशेच राज्याची उदरगत  करूं शकता. गोय सरकार  हाचे मुखार कृषी कार्डाच्या मार्फत दर एका शेतकऱ्याक पाच लाख रुपया पर्यंत रीण दितले आनि या सगळ्या शेतकी खात्याच्या येवजण्याचो उपेग करून चढानचढ तरणाट्यांनी शेती व्यवसायात देवचे अशें आवाहन मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं केले. आयज गोंय सरकारच्या कृषी खात्यान साखळीच्या रविंद्र भवनात आयोजित केल्या कृषी मेळाव्यात मुख्यमंत्री उलयताले. हे वेळार त्यांचे वांगडा शेतकी खात्याचे अधिकारी तशेच हेर मानेस्त हजर आसले . किशोर भावे ,वरद सामंत ,तशेच कृष्णा सिनारी

हांचे सारख्या तरणाट्या शेतकामत्यांनी विज्ञानिक आनि तंत्रज्ञानाचो उपयोग करून शेती बागायतीच्या माध्यमातून आर्थिक फायदो करून घेतला .त्यांच्या पावलावर पावल दवरून आनी तांचो आदर्श नजरेसमोर धरून हेर शेतकामत्यांनी बी शेतीच्या माध्यमातून स्वतःची उदरगत घडोवन हाडची अशे आवाहन मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं केलां.

गोंय हस्तकला म्हामंडळान 31 मार्चाक अपरांन्त मांण्ड 2025 ह्या प्रदर्शनाचे म्हापसा देव बोडगेश्वर देवळाच्या मैदानाचेर पाच दीस म्हणल्यार 31 मार्च ते 4 एप्रील मेरेन आयोजन केला. प्रदर्शनाचे उक्तावण सांजेच्या साडे पाच वराचेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जातले अशी म्हायती हस्तकला म्हामंडळाचे अध्यक्ष आनी पेडणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी पत्रकार परीशदेत दील्या. 15 सर्सा उपरांत अपरांन्त मांड ह्या प्रदर्शनाचे आयोजन केला.ह्या प्रदर्शनात हस्तकला कारागीरांचे 150 वयर दालना आसतली.जाल्यार प्रदर्शनात वाटो घेवपाक इत्सुक आशील्ल्या हस्तकारागीरनी गोंय हस्तकला म्हामंडळाकडे संपर्क करून तांच्या वस्तु खातीर दालन मेळोव येता, प्रदर्शनात घाल्ल्या दालनाखातीर फी घेवचे ना अशी म्हायती प्रवीण आर्लेकार हांणी दील्या..प्रदर्शनात गोंयचे सुरबुस खाणाचे जीन्नस तशेंच गोंयची लोककला आनी संस्कृतायेचे दर्शन घडोवपी कार्यावळी जातल्यो.जाल्यार गुढीपाडव्याच्या शुभमुहुर्ताचेर पणजे कदंबा बस स्टेण्डांचेर आशील्ले गोंय हस्तकला म्हामंडळाचे अपरान्त मांडाचे नुतनीकरण केल्ल्या दालनाचे उक्तावण जातले अशी म्हायती हस्तकला म्हामंडळाचे अध्यक्ष अजय गावडे हांणी दील्या.

प्रत्येकाकडे एक खाशेलपण आसता,हे खाशेलपण स्वत ओळखुन ताका आकार दीवन स्वतचो फुडार घडोवपाची ताक आयच्या तरणाट्यांमदी आसपाक जाय अशे मत गोंय विधानसभेचे सभापती रमेश तवडकार व्यक्त केला.ते युवा सांसद ह्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. ह्यावेळार नेहरू युवा केद्राचे निमंत्रक कालीदास घाटवळ तशेंच गोंय विधानसभेचे जोड सचीव मोहन गांवकार हाजीर आशील्ले. पुस्तकी शिक्षणा इतलेच हेर मळार जर खंयचो विद्यार्थी बरो हुशार

आसा जाल्यार ताच्या कलागुणांक लेगीत खुप महत्व आसा.गोंय हे सुसंस्कृत मनशांचे राज्य,गोंयच्या गांवगिऱ्या वाठारात खरो आनी चड कलागुण आनी कार्यक्षम आशील्लो तरणाटो आसा अशे सभापती रमेश तवडकार हांणी म्हणला. जाल्यार युवा सांसद कार्यावळीच्या माध्यमातल्यान राजकारणावीशी म्हायती विद्यार्थ्यांक मेळची,तातुल्यान भावी राश्टीय आनी राज्य पांवड्यावेले राजकीय फुडारी तयार जावचे,राजकारणाचो धोरणातल्यान समाज जीवनाचेर जावपी परीणाम हे वीशी विद्यार्थी दशेतल्या तरणाट्यांक म्हायती मेळचो हो युवा सांसद ह्या कार्यावळीचो मुख्य हेतु आसा अशे कालीदास घाटवळ हांणी म्हळा.भारत सरकाराच्या युवा व्यवहार संचालनालय,नेहरू युवा केंद्र तशेंच राश्टीय सेवा येवजणेच्या जोडपालवान ह्या कार्यावळीचे आयोजन केल्ले.जाल्यार युवा सांसद कार्यावळीत राज्यभरातल्या म्हाविद्यालयातल्या विद्यार्थी प्रतीनीधीनी वाटो घेतील्लो.

२०२६ वर्सा सावन धावी वर्गाच्या परिक्षांनी विषयाच्या मुळाव्या संकल्पनाचेर आधारीत प्रस्न आसतले अशें गोंय माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेट्ये हांणी सांगलें. फाटल्या वर्सा णवे वर्गा खातीर एनईपी चालीक लायिल्ली, ते विद्यार्थी अंदू धावे वर्गांत प्रवेश घेतले अशें शेट्ये हांणी सांगलें. ते प्रमाण तांकां मातशें कठीण अशें मुळाव्या संकल्पनाचेर आदारिल्ले प्रस्न आसतले. २०२५ म्हळ्यार ओदूं अशे तरेच्या प्रस्नांचे प्रमाण ५ ते १०% इतलें आशिल्ले तें आता वाडून १०-१५% मेरेन वतलें. तोंड पाठ करून घोकंपट्टी आदारीत प्रस्न उणे करप आनी लक्षांत दवरून शिकपाक प्रोत्साहन दिवपी प्रस्न वाडोवप हो हाचे फाटलो मुखेल हेत आसा अशें तांणी सांगलें. एन सी ई आरटीच्या उपक्रमांतल्यान घेतिल्ल्या शिफारशींक हो निर्णय पाळो दिता शिक्षकां खातीर मंडळा कडल्यान पयलींच प्रशिक्षण सत्रांची माळ सुरू आसा. एनईपी प्रमाण चार नवे उपविशय सुरू जाल्ल्यात पूण शालांत मंडळ २०२६ वर्सा स विशयां खातीर सदचे भशेन धावेची परिक्षा घेतले. पूण चार नव्या विशयांक मंडळ प्रस्नपत्रिका तयार करतलें आनी जांचे मुल्यांकन शाळाच करतले. चार नवे विशय आसपावीत केल्यात

तांतूत शारिरीक शिक्षण, वेवसायीक शिक्षण, कला शिक्षण, आनी आंतर - विद्या शाखीय अभ्यास आसपावता अशें तांणी सांगलें

साहित्य मंथन सत्तरी आणि श्री सातेरी केळबाय घाडवंश देवस्थान रावण सत्तरी यांच्या जोड पालवान  फाल्यां शेनवार 29 आनि आयतार  30 मार्च क  चौथे ग्रामीण साहित्य संमेलन 2025 जातलें. या संमेलनाच्या उक्तावण सुवाळ्याक उद्घाटक म्हणून पर्ये मतदार संघाची आमदार डॉक्टर देविया राणे हजर आसतली .त्यांच्या सांगतान ज्ञानपीठ पुरस्कार विजेते दामोदर मावजो कार्यवळचे अध्यक्ष म्हन हजर आसतले .मुखेल सोयरे म्हणून केंद्रीय साहित्य अकादमी पुरस्कार विजेते प्राध्यापक प्रवीण बांदेकर, संमेलनाचे अध्यक्ष कमलाकर माळशी ,केरी जिल्हा पंचायत वांगडी देवयानी गावस, केरीची सरपंच सुप्रिया गावस ,साहित्य मंथन सत्तरीचे अध्यक्ष श्री काशिनाथ नाईक तशेच हेर मानेस्त हजर आसतले. दोन दिस चलपी या ग्रामीण साहित्य संमेलनात कवी संमेलन, चर्चासत्र ,मुलाखती तशेच मनोरंजनाची कार्यावळी जातल्यो. या साहित्य संमेलनाक साहित्य मोगीनी व्हडा संखेन हजर रावचे अशे आवाहन साहित्य मंथन सत्तरी या संस्थेने केला.

कंबोडिया आनी थायलंडांत एजंटां वरवीं रोजगार सोदपी लोकांनी वेव्हार करचे पयलीं सादूर रावचें आनी आपली कागदपत्रां तपासची असो सल्लो पुलिसांनी दिला. सायबर स्लेवरी जॉब स्कॅम प्रकरणांत अटक केल्ल्या तिगां दुबावितां कडल्यान नवी नवी म्हायती मेळटा म्हणून पुलीस परदेशांत नोकर भरती करपी एजन्सीची चवकशी करतले. पोलिसांनी आदित्य रविचंद्रन, रूपनारायण गुप्ता आनी तलानिती नुलाक्सी ह्या तीगांक अटक केल्या.परदेशांत नोकर भरती करपी गोंयांत फकत 9 मान्यताय मेळिल्लीं एजन्सी आसात, अशें पुलीस महासंचालक आलोक कुमार आनी सायबर विभागाचे पुलीस अधीक्षक राहुल गुप्ता हांणी पत्रकार परिशदेत सांगलें.  हे पत्रकार परिशदेंत सायबर स्लेवरी जॉब स्कॅम प्रकरणांत गोंय पुलिसांनी केल्ले कामगिरीची म्हायती दिली. अटक केल्ल्या दुबावितां कडल्यान नवी नवी म्हायती मेळटा. ह्या प्रकरणां संबंदी कांय गाजलीं गोंयांत आसात काय? तशेंच हे खातीर दुबावितांनी गोंयांतल्या कांय जाणां कडल्यान मदत घेतल्या काय? ताचीय चवकशी चालू आसा

आशे पुलीस अधीक्षक राहुल गुप्तान सांगले. बँक खातीं आनी सिम कार्ड भाड्यान घेवन लोकांक नोकरी दिवपाचें उतर दिवन फटोवपी हे एक आंतरराष्ट्रीय रॅकेट आसा. तपास जाले उपरांत कितल्या जाणांक फटयलां. रॅकेटांत कितले लोक आसात तें उक्तें जातलें अशें तांणी सांगलें.

जागतिक रंगभूमी दिस २०२५ च्या उत्सवाचो एक भाग म्हणून, अभिव्यक्ती - पणजी हांच्या जोडपालवान, सुनपरांत गोवा सेंटर फॉर द आर्ट्स, २९ आणि ३० मार्चाक सांजे ७ क अज्ञेत-कथा हो एक विशेष नाट्यप्रयोग सादर करतले. ही निर्मिती लोक-महाभारतातली एका पुनर्कल्पित भाग (अज्ञेतकथा) चो सोध घेता, ज्यातुन दादलो आणि बायल शक्तींच्या नाजूक परस्परसंवादाचो शोध घेतात पारंपारिक गोवा कथा गायन (कथा वाचन) स्वरूपात रचलेले हे सादरीकरण भारतीय रंगभूमीकरता.आणि नृत्याच्या घटकांचे मिश्रण करून या कालातीत महाकाव्यातली एक अकथीत कथा जिती करता. सादरीकरण: अभिव्यक्ती - पणजी पटकथा: अंतरा भिडे डिझाइन, संगीत, निर्मिती प्रभारी आणि दिग्दर्शन डॉ. साईश देशपांडे

स्पोर्ट्स

स्क्वॉशांत  भारताची अनाहत सिंग आनी अभय सिंग हांणी मुंबयंत  इंडियन ओपन 2025 च्या बायलां आनी दादल्यांच्या एकेरी सरतिच्या अंतिम फेरयेत  प्रवेश केला. आयज सांजवेळा फायनलींत अनाहत  आनी हाँग कोंगआंची  हेलन तांग हांचे मदी  खेळ जातलो . ही मॅच रातच्या 8 वरा पदरा मिंटनचेर  सुरू जावपाची आसा.

तापमान

पणजीत नोंद जाल्ले तापमान कमाल 34 किमान 24.2 डिग्री सेलसीयस हवेतली आर्द्रता 68 %  हवामान सुके आसतले आनी तापमान 34 ते 35 डिगरी सेलसीयस

आसू येता  आणि सकाळी काय प्रमाणात धुके पातळू येता असो अदमास वेधशाळेन उक्तायला

राज्यात गिरायक संरक्षण कायदो मजबूत करपाच्या विशयाचेर गोंय राज्य गिरायक हक्क संरक्षण मंडळाच्या बसकेत चर्चा जाली. नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार मंत्री रवी नायक हांचे अध्यक्षते खाला पर्वरे मंत्रालयांत बसका जाली.बसकेक नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याचे सचीव संजीत रॉड्रिग्ज, आयएएस, गोंय राज्य गिरायक संरक्षण मंडळाचे वांगडी सचीव आनी नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याचे संचालक जयंत जी. तारी आनी मंडळाचे हेर सदस्य हाजीर आशिल्लें. संजीत रॉड्रिग्ज हांणी गिरायकांच्या हक्कांचे संरक्षण आनी समर्थन करप ही दरेकाची जापसालदारकी आशिल्ल्याचें सांगून सगळ्या संबंदीत यंत्रणांनी योगदान दिवपाची गरज उक्तायली.मंडळाच्या वांगड्यांनी जायत्यो मोलादीक सुचोवण्यो केल्यो. गिरायक हक्क संरक्षण कायद्याच्या नेमांची अंमलबजावणी, गोंय राज्या खातीर थेट विक्री देखरेख प्राधिकरण यंत्रणा नेम निश्चीत करप, राज्य आयोग आनी जिल्हो आयोगां संबंदीत प्रशासकीय मुद्दे, गोंयांत बी आय एसचे उपकार्यालय, मंडळा खातीर भोंवतो पंगड, दक्षीण गोंया खातीर गिरायक तडजोड  समिती स्थापना अशां साबार विशयांचेर चर्चा जाली. मंडळाचे वांगडी ॲड. यतिश नाईक हांणी गोंय राज्या खातीर विशिश्ट गिरायक संरक्षण नेम अधिसूचित करपा खातीर एक उपसमिती स्थापन करपाचो प्रस्ताव मांडलो.

-----------